**गोंय विद्यापीठान दोन कोंकणी अनुवादक पदांखातीर अर्ज मागयल्यात**

ता. 16 जानेवारी 2025

गोंय विद्यापीठान भारतीय भाशां विभागा खाला विद्यापीठाच्या व्हेबसायटी वयलो मजकूर इंग्लिशीतल्यान कोंकणीत अनुवादीत करपाचे काम करपा खातीर दोन कोंकणी अनुवादक पदां खातीर कोऱ्या कागदाचेर अर्ज मागयल्यात.

उमेदवारा कडेन पयल्या वर्गा सयत कोंकणीत मास्टर्स पदवी आनी युनिकोडांत देवनागरी गिन्यानाची पात्रताय आसपाक जाय. कोंकणीत अनुवाद करपाचो अणभव आवश्यक आसा. म्हयन्याक 20,000/- रूपया पगार आसतलो. प्रकल्पाचो कार्यकाळ दोन म्हयने आसतलो.

इत्सूक आनी पात्र उमेदवारांनी मुलाखती खातीर 20 जानेवारी 2025 दिसा सकाळी 10.30 वरांचेर ब्लॉक डी, डायरेक्टोरेट बिल्डिंग, गोंय विद्यापीठ हांगा हजर रावचे. चड म्हायती खातीर rama.murkunde@unigoa.ac.in हांका ईमेल धाडचो._

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/55

--

-----------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.